# कारागिर परीक्षेचो निकाल जाहिर

ता. 1 डिसेंबर 2017
10 मार्गशीष 1939

कुशळताय विकास आनी उद्‌देजकता खात्याच्या परीक्षा मंडळान अभ्यासस्त्र पद्‌दतीखाला अनुत्तीर्ण आनी नियमीत प्रशिक्षणार्थ्यांखातीर जुलय, ऑगस्ट 2017 घेतलेल्या कारागिर परीक्षेचो निकाल जाहिर केला आनी उत्तीर्ण उमेदवारांच्या आसन क्रमांकाची यादी संबंदीत सरकारी आनी खाजगी आयटीआय केंद्राच्या नोटिस बोर्डाचेर लायिल्ली आसा.

अनुत्तीर्ण आनी नियमीत प्रशिक्षणार्थ्यांनी जानेवारी, फेब्रुवारी 2018 च्या परीक्षेक बसपाखातीर संबंदीत आयटीआय संस्थेत अर्ज कपाची निमणी तारीख 5 डिसेंबर 2017 आसा आनी अशें अर्ज चलन  पावतीसयत ता. 8 डिसेंबर 2017 मेरेन कुशळताय विकास आनी उद्‌देजकताय संचालनालय, पणजी हांगाच्या परीक्षा विभागात पावपाक जाय.

तशेंच गुणांचे फेरमुल्यांकन करपाखातीर संबंदीत आयटीआय संस्थेत अर्ज करपाचे निमणी तारीख 5 डिसेंबर 2017 आसा.